आकाशवाणी पणजीच्या
राष्ट्रीय खबरो

6th June 2026 6.30 p.m.

## PM – EAC

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज पीएम-आर्थीक सल्लागार मंडळाच्या वांगड्यां कडेन बसका घेतली. संवसारीक अस्थिरतायेच्या काळांत भारताची अर्थीक वाड आनीक वाडोवपा खातीर वेगवेगळ्या विचारांचेर आनी उपायांचेर प्रधानमंत्री आनी EAC मंडळान भासाभास केली. तशेंच जिणेची सोय आनी वेवसाय करपाची सोय वाडोवपा खातीर वेगवेगळे सुदारणां विशीं चर्चा जाली. अस्तंत आशिया संघर्शाचो भारत आनी संवसाराचेर कितलो परिणाम जातलो हाचे विशींय वांगड्यांनी आपलें निर्धारण दिलें.

## RBI

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन विदेशी पोर्टफोलियो गुंतवणूकदार वा एफपीआय सरकारी सिक्युरिटीजांत गुंतवणूक करपाचे नेम सोंपे केल्यात. गुंतवणूक सोपी करप आनी विदेशी लोकां खातीर अनुपालन उणें करपाच्या हेताखाला हि सुदाराणा जाल्यात

## Ashwini West Bengal

अस्तंत बंगालांत बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ले रेल्वे प्रकल्पपांचे प्रश्न सुटावे करून, राज्यांत रेल्वे मुळाव्या साधनसुविधा उदरगतीचो नवो काळ सुरू जातलो अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. 2026-27 वर्साच्या रेल्वे अर्थसंकल्पांत अस्तंत बंगालाक 14 हजार 205 कोटी रुपया दिल्यांत. राज्यांत धा अमृत भारत स्टेशनां पयलींच पुराय जाल्यांत, जाल्यार सध्या णव वंदे भारत एक्सप्रेस आनी जायत्यो अमृत भारत रेलगाडयो चालू आसात अशें कोलकाताच्या नबन्ना हांगा मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांचे वांगडा संयुक्त पत्रकार परिशदेंत उलयतना वैष्णव हांणी सांगलें, तांणी सांगलें.

## Rajnath Singh

जायत्या देशांक अर्थीक अनिश्चितीतायेक तोंड दिवपी काळांत संवसारांतली सगळयांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था म्हणून भारत उबो रावपाचो आसा अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज सांगलें. 2025-26 वित्तीय वर्सा 7.7 टक्क्यांच्या नोंदणीकृत जीडीपी वाडीच्या दराचेर उल्लेख करून सिंग हांणी सांगलें कि, हि वाड फाटल्या 12 वर्सांत भारतीय अर्थवेवस्थेच्या लवचीकपण आनी मुळाव्या बळग्याचे कामगिरीचेर भर दिता. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतान अर्थीक वाड आनी स्थिरताय, आत्मविस्वास, टिकावूपण आनी विस्वासपात्रताय हांचो मेळ केला अशे म्हळें.

## CBSC

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ, म्हळयार सीबीएसईन गूण सत्यापन आनी पुनर्मूल्यांकन करपा खातीर अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक फाल्यां मेरेन वाडयल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत आतां विद्यार्थ्यांक आयतारा मध्यान रातीं मेरेन अर्ज सादर करपाक मेळटले अशें मंडळान सांगलां. अर्ज प्रक्रिया पुराय करपाक तांकां अतिरिक्त वेळ दिवपा खातीर विद्यार्थ्यांच्या हितांत हो निर्णय घेतला अशें सीबीएसईन सांगलें. अर्ज सादर करपाची पयली मुजत ह्या म्हयन्याची 6 तारीक आशिल्ली

## Mango Festival

भारतीय आंब्याचो प्रसार आनी आस्वाद घेवपाचो उत्सव म्हळयार Mango Magic Festival लाची दुसरी आवृत्ती आयज अमेरिकेंतल्या सिएटलांत जाली. प्रदर्शनांत आशिल्ल्या भारतीय आम्यामच्यो सात प्रीमियम जाती, तातूंत महाराष्ट्रांतले Alphonso and Kesar आल्फोन्सो आनी केसर, आंध्र प्रदेशांतले Banganpalli and Himayat बांगनपल्ली आनी हिमायत, उत्तर प्रदेशांतले vLangra and Dussehri लंगरा आनी दशहरी आनी गुजरातांतल्यान Ripe Rajapuri रिप राजापुरी हांचो आस्पाव आशिल्लो.

## Pragg- PM

नॉर्वे बुध्दिबळ 2026 खिताब जिखल्या बद्दल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आर प्राग्नानंदाक परबीं भेटयल्या. ताजे हें विस्मयकारक कर्तृत्व ताच्या तिगून आशिल्ल्या उत्कृश्टतायेचेर भर दिता अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्मोदी हांणी सांगलें. Rameshbabu Praggnanandhaa हो नॉर्वे बुध्दिबळ खिताब जिखपी पयलो भारतीय ग्रॅण्डमास्टर थारला.

## BCCI

भारतांतल्या क्रिकेट नियंत्रण मंडळान आयज इंग्लंड आनी आयर्लंड भोंवडे खातीर टीम इंडियाचो 16 वांगड्याचो टी-20 आंतरराष्ट्रीय पंगड जाहीर केलो. सूर्यकुमार यादवाच्या जाग्यार श्रेयस अय्येराची भारताचो नवो टी-20  कर्णधार म्हणून नेमणूक केल्या  जाल्यार तिलक वर्माची उप कर्णधार म्हणून नेमणूक केल्या. तशेंच आयपीएल 2026 वर्साच्या व्हडल्या हंगामांत सगळयांत चड धांवड्यो काडिल्ल्यान खळबळजनक तरणाटो खेळगडो वैबन्हव सूरीवंशीचोय बीसीसीआयन पयलेच खेपे पंगडांत आस्पाव केला.

## India- Afghanistan Test

भारत आनि अफगाणिस्तान हांचे मदी मुल्लनपूर, नवी चंडीगढ हांगा सुरु आशिल्ल्या टेस्ट क्रिकेट खेळाचो आईज पयलो दिस सोपलो. भारतानं कुरुबावलो जिखून बेटिंग करपाचे थारायलें. आयच्या दिसा 3 गडी व्हगडावन न 368  धावडयो काडल्यो. तातून KL Rahul आनी Shubhman Gill हांच्या शतकांचो आस्पाव आसा

## IMD

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन केरळ आनी माहेच्या वेगळयावेगळया वाठारांनी उटानगराचो पाऊस पडपाचो अदमास कडून रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत ईशान्य भारत, कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी व्हडा प्रमाणात पाऊस पडपाची शक्यताय आसा